10 April 20205 7.25am

आकाशवाणी पणजी

CM Meeting रश्मि 110

भारत आनी पाकीस्तान हांचेमदी सध्या सुरू आशील्ल्या परीस्थीतीच्या फांटभुयेर, खबरदरीचो उपाय म्हणून मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल, वरीश्ठ पुलीस अधिकाऱ्यावांगडा तशेंच सुरक्षा यंत्रणेक पणजे तांच्या निवासस्थानाचेर खासा बसका घेवन, अंतर्गत सुरक्षा घटमुट करपाचो तशेंच सर्तक रावपाचो आदेश अधिकाऱ्यांक दीला. हे शीवाय बंदर कप्तान खात्यान , नुस्तेमारी करपी रापणकारांक नुस्तेमारीखातीर आखुन दील्या राज्य पांवड्यावेल्या, दर्याच्या उदकाच्या शीमे भितरूच म्हणल्यारूच, 12 nauticles अंर्तगत नुस्तेमारी करची ,शीमेभायर वच्चे न्ही, असो आदेश दीला. नुस्तेमारीखातीर जर नवो कामगार घेतला आसत जाल्या ताचे ओळखपत्र नोंदणी करप,नुस्तेमारी करपाक वतना नुसतेमारी करपाचो पास घेवप, खरपणान सक्तीचे केला तशेंच जेटीचेर वा दर्यात जर दुबावीत हालचाली नदरेक आयल्यो जाल्यार, त्यो रोखड्योच बंदर कप्तान खात्याक कळीत करच्यो, अशेय ह्या आदेशात म्हणला.

जीएसआयडीसी बसका गणेश -

जीएसआयडीसीचे बसकेंत 560 कोटींच्या 9 मोट्या प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हातूत दाबोस पुला सयत सांग्यार रवींद्र भवन प्रकल्पाक लेगीत मान्यताय दिल्या. रवींद्र भवना खातीर 78 कोटी रुपया खर्च येतलो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला, गोंय मुळाव्या साधनसुविधा म्हामंडळाची बसका जाली. गोंय वैजकी म्हाविद्यालया खातीर शिक्षणीक इमारत (281 कोटी), गोरवा चिकित्सा म्हाविद्यालय इमारत (143 कोटी), वेळगें- दाबोस पूल (16 कोटी), रवींद्र भवन, सांगें (78 कोटी), बोंदीर सांता क्रुझ हांगा खेळा संकूल (9 कोटी), मुरगांवां 20 खाटींचे भलायकी केंद्र (18 कोटी), आयओसीचे मजतीन दिवचले हॉस्पिटल (7.5 कोटी), पाळी - कोठंबी पंचायत इमारत (5.05 कोटी), बेतकी - खांडोळा मार्केट

संकूल (2.50 कोटी) ह्या प्रकल्पांक बसकेंत मान्यताय दिली, अशी म्हायती GSIDCचे वेवस्थापकी संचालक हरीश अडकोणकार हांणी दिली.

तंत्रनिकेतन प्रवेस गणेश -

राज्यांतल्या तंत्रनिकेतनांत (पॉलीटेक्नीक) पयल्या वर्साच्या प्रवेशा खातीर इत्सूक विद्यार्थ्या कडल्यान, 1050 अर्ज आयल्यात. अर्ज करपाची निमाणी तारीख सोंपल्या. प्रवेशा खातीरची पात्र विद्यार्थ्यांची वळेरी 16 मे मेरेन जाल्यार गुणवत्तायेची वळेरी 23 मे मेरेन, जाहीर जातली. प्रवेशाची पयली फेरी 26 मे ते 30 मे मेरेन जातली. तां◌ंत्रीक शिक्षण संचालनालयाचे उपसंचालक प्रदीप कुस्नूर हांणी म्हायती दिली. गुणवत्ता वळेरींत आस्पाव जाल्ल्या विद्यार्थ्यांनी पयले फेरयेंत प्रवेश घेवचो. तशेंच 30 मे 2025 दिसा सकाळीं 10 वराचेर, स्पॉट प्रवेश फेरी जातली. सुवातो रित्यो उरत जाल्यार, त्यो स्पॉट फेरयेंत भरतले.

DIP/सुशांत १००

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी ॲग्ना क्लीटस हांणी हवाई हल्लो जावपाची शिटकावणी दिवपी सायरन वाजलो, आनी ब्लॅकआऊट जाहीर केलो जाल्यार सामान्य लोकांनी आनी प्रशासकीय यंत्रणेन कशे वागचे, हे खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. नागरी संरक्षण नेम आनी राष्ट्रीय नागरी संभाव्य घडणूक प्रोटोकोला प्रमाण सगळें विभाग, थळाव्यो संस्थां, आपतकालीन सेवा आनी लोकांनी हवाई हल्लो वा ब्लॅकआऊट आदेशा वेळार, एसओपी नेमाक पाळो दिवपाक जाय. मजगती सुरक्षेच्या कारणा खातीर पुराय गोंयांत ड्रोन वा हेर कसलेय यंत्र/वाहन हवेत हुबोवपाक बंदी लागू करपी आदेश,  दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान जारी केला.

Electricity - रश्मि 90

गोंय वीज खात्यान फुडल्या तीन वर्साखातीर लायटीच्या बीलात 3.88 ते 5.9 टक्क्यांनी वाड करपाचो प्रस्ताव, पणजे इन्सटीट्युट मिॅनेझीस ब्रागांझा सभाघरात संयुक्त वीज नियामक आयोगान घेतील्ल्या, भौशीक सुनावणेवेळार गोंय वीज

खात्यान मांडला. ह्या सुनावणेक राजकीय पक्षाचे प्रतीनीधी, तशेंच बिगर सरकारी संस्थाचे प्रतीनीधी, उद्देगीक मळावेले जाळवणदार, वीज गिऱ्हायक हाजीर आशील्ले. फाटल्या तीन वर्सात वीज पुरवणीत 10-12 % वाड जाल्या. गोंय राज्य वीज निर्मिती करीनात. वीज भायल्या राज्यातल्यान विकती घेता. वीजेचे मोल वाडील्ल्यान वीज गिऱ्हांयकांखातीर वीज दरात वाड करची पडटली, आयोगान ह्या प्रस्तावाक मंजुरी दील्यार, ही वाड जुन म्हयन्यासावन लागु जातली, अशी म्हायती मुखेल electrical engineer stephen fernandes हांणी दील्या.

(BYTE)

Margao Website - सुशांत

मडगाव पालिकेन तयार केल्ल्या स्वत:चे व्हेबसाईटीचे मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्यो हस्तुकी काल उक्तावण जाले. गोवा इलेक्ट्रॉनिक लिमिटेड, ह्या आस्थापनाच्या आदारान तयार केल्या हे व्हेबसाईटीवरवीं लोकांक प्रभावी आनी बेगोबेग सेवा उपलब्ध करुन दिवपाखातीर, मडगाव पालिकेन प्रयत्न करचो, अशें ह्यावेळार कामत हांणी सांगलें. ह्यावेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, उपनगराध्यक्ष बबिता नायक आनी हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले.

रश्मी कॉंग्रेस -

भारत -पाकीस्तान तणावपुर्वक परीस्थीतीत, पाकिस्तानाक चोख प्रत्युत्तर दिल्लयाच्या फांटभुयेर गोंय कॉंग्रेसीन आयज नौदळ,वायुसेना, तशेंच लश्कर सेनेचे तुस्त करपाच्या हेतान, ह्या सेनांक परबी भेटोवपी तिरंगा यात्रा रॅली पणजेत काडली. ह्या तिन्हुय सेनांचो जय-जयकार करताना, भारतीय सेना जिन्दाबाद, भारत माता की जय, वन्दे मातरम अश्यो घोशणा ह्यावेळार कॉंग्रेसीच्या फुड्याऱ्यांनी दिल्यो. ह्यावेळार कॉंग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमित पाटकार, आमदार कार्लुस फरेरा, तशेंच दक्षीण गोंयचे खासदार विरीयेतो फर्नांडीस आनी कॉंग्रेस पक्षाचे हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो, आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरपत्र तुमका आयकुपाक मेळटलें आयज सांजे 7 वरा जावन, 2० मिनटांचेर नमस्कार